Aakashwani Panaji National 6.30 pm 26 January 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज प्रजासत्ताक दिसाच्या परेडाक देशाच्या विविधतायेच्या एकचाराचें जिवंत प्रदर्शन अशें म्हणलें. सोशल मिडिया पोस्टांत तांणी , भव्य परेडांत सांस्कृतीक दायज आनी लश्करी पराक्रम दाखयले अशे म्हणला . तांणी जिवंत चित्ररथ आमच्या राज्यांच्या गिरेस्त परंपरेचें प्रतिनिधित्व करतात.

---

आयज राष्ट्र छत्तारावो प्रजासत्ताक दीस मनयता. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी नवी दिल्लींतल्या कर्तव्य मार्गा वेल्यान प्रजासत्ताक दीस मनयतना राष्ट्राचें फुडारपण केलें. प्रजासत्ताक दिसाची परेड सकाळीं 10:30 वरांचेर सुरू जाली आनी सुमार 90 मिनटां चलली.प्रजासत्ताक दिसाची परेड सुरू जाली आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी राष्ट्रीय झुजाच्या स्मारकाचेर फुलाहार ओपले.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू विधीपुर्वक बग्गींतल्यान कर्तव्य मार्गाचेर पावल्यो आनी विधीपुर्वक मोर्चा फाटल्यान सलामी घेतली , तातूंत सशस्त्र दळ, परा लश्करी दळ, सहाय्यक नागरी दळ, एनसीसी आनी एनएसएस हांचे युनिट आसले. इंडोनेशियाचे राष्ट्रपती प्रबोवो सुबियांतो हे परेडांत मुखेल सोयरो आसले.देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्या वाद्यांनी ‘सारे जहां से आछा’ वाजोवन 300 सांस्कृतीक कलाकारांनी परेडाची घोशणा केली.हेलिकॉप्टर युनिटांतल्या एमआय-17 1व्ही हेलिकॉप्टरांनी फुलांच्या पाकळ्यांचो वर्षाव केलो. इंडोनेशियांतल्यान आयिल्ल्या 160 वांगड्यांची मार्चिंग पंगड आनी 190 वांगड्यांची बँड पंगड ह्या परेडांत वांटो घेतली. वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान, केंद्रीय प्रदेशांतल्यान, केंद्र सरकाराच्या मंत्रालयांतल्यान आनी खात्यांतल्यान एकतीस चित्ररथांनी वांटो घेतिल्लो , तातूंत “स्वर्णिम भारत: विरासत और विकास” हो विशय दाखयलो. हरियाणाच्या चित्ररथांत भगवद गीता आनी उत्तर प्रदेशाच्या चित्ररथांत चालू आशिल्ल्या महाकुंभ 2025चें चित्रण आशिल्लें.47 विमानांनी फ्लायपास्ट करून ही कार्यावळ सोंपली. गांवांतले

सरपंच, हस्तकला आनी हातमाग कारागीर, एसएचजी वांगडी, आशा आनी आंगनबाडी कामगार, रस्तो बांदकाम कामगार, रस्तो बांदकाम कामगार हांचे सयत 34 वर्गांतले धा हजार खाशेले सोयरे खाशेले सोयरे म्हूण आपयले.

---

नवी दिल्लीच्या आकाशवाणी भवनांत आयज छ्यात्तराव्या प्रजासत्ताक दिसा म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी खासा सोयऱ्यां कडेन संवाद सादलो.गांवांतले सरपंच, हस्तकला आनी हातमाग कारागीर, आप मजत गट वांगडी, आशा आनी आंगनबाडी कामगार, रस्तो बांदकाम कामगार, हांचे सयत 34 वर्गांतले धा हजार खाशेले सोयरे म्हूण आपोवने आसलें . ह्या समाजा खातीर वावुरपी कष्टाळु लोकांचो उल्लेख प्रधानमंत्री मोदींन आपल्या मन कि बात कार्यावळीत केलो अशें मंत्री वैष्णव हाणी सांगला. प्रधानमंत्री मोदीन आपल्या मन की बात कार्यावळी वरवीं लोकांनी केल्ल्या प्रेरणादायक कामा विशी उलयल्या अशे आकाशवाणी कडेन उलयतना मंत्री वैष्णवान हाणी सांगलें.

---

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आयज ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिवन आनी संचलनाची पळोवणी केली .संविधान फकत एक कायदेशीर दस्तावेज, न्हय तर स्वतंत्रताय, समानताय आनी भावपणाच्या तत्वांचो जीवंत पुरावो आसा.गोंयच्या प्रगतीचो नियाळ घेतना राज्यपालान , परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जावन 1961 वर्सा गोंय भारतीय प्रजासत्ताक वेवस्थेत सामील जाले. गोंय राज्य आपली सोबितकाय, संस्कृती आनी लोकांमदल्या सलोख्या खातीर फामाद आसा. सध्याचे राज्य सरकार रस्ते, रेल्वे, विमानतळ, पूल अशों साधनसुविधां उपलब्ध करून गोंयची प्रगती आनी विकासा खातीर तोखणायेचो वावर करता अशे पाणी मुखार सांगले . मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला गोंय राज्य नेटान उदरगतीची कामां करता.

आयज राष्ट्रभर प्रजासत्ताक दीस मनयतात. १९५० वर्सा भारताचें संविधान लागू जाल्ल्या प्रसंगाची हो दिस जाणीव करून दिता .सगल्यांक न्याय, समानताय आनी स्वाभिमान सुनिश्चीत करपी संविधानांत आस्पाव केल्लीं मुल्यां पाळपाचे महत्व  ह्या दिसा आमका जाणवता.